Panaji Regional 14th August 2026 7.25am

Prez

राष्ट्रपती द्रौपदी मुर्मू आज 80 व्या स्वातंत्र्य दिसाच्या पूर्व सांजेर राष्ट्राक संबोधित करतल्यो. राष्ट्रपतिचे संबोधन सांजवेळा 7 वरांचेर आकाशवाणीच्या पुराय राष्ट्रीय नेटवर्काचेर प्रसारीत जातलें आनी दूरदर्शनाच्या सगळ्या चॅनलांचेर हिंदींतल्यान आनी उपरांत इंग्लीशत प्रसारीत जातलें. दूरदर्शनाचेर हिंदी आनी इंग्लीश भाशेंतल्यान संबोधनाचें प्रसारण जाले उपरांत दूरदर्शनाच्या प्रादेशिक चॅनलांचेर प्रादेशिक भाशांनी प्रसारण जातलें.आकाशवाणी आपल्या प्रादेशिक नेटवर्कांचेर रातच्या 9:30 वरांचेर प्रादेशिक भाशानी हाजे प्रसारण करतली.

CM

पर्वरी उड्डाण पुलाचे 10 संप्टेबराक केंद्रीय रस्तो येरादारी आनी म्हामार्ग मंत्री नितीन गडकरी हांच्या हस्तुकी उक्तावण जातले ,जाल्यार पेडणे पत्रादेवी हांगा आशील्ल्या नुतनीकरण केल्या हुतात्मा स्मारकाचे 25 आॅगस्टाक केंद्रीय सरंक्षण मंत्री राजनाथ सिंह हांच्या हस्तुकी उक्तावण जातले अशी म्हायती मुखेलमंत्री प्रमोद सावंत हांणी दिल्या.पर्वरे मंत्रालयात घेतिल्लया पत्रकार परीशदे वेळार तांणी ही म्हायती दिल्या.
काल जाल्ल्या मंत्रीमंडळाच्या बसकेत कोमुनिदादी खातीर 100 पदांची निर्मिती करपाचो निर्णय जाल्ल्याची म्हायती मुखेलमंत्री Dr. प्रमोद सावंत हाणी दिली.

हे शिवाय, ज्योती विद्यालयाच्या विद्यार्थ्यां खातीर दवोर्ली हांगा, उदका संसाधन खात्याची 2 हजार 700 परस चड चौखण मिटर जमीन दिवपाचो निर्णय, मंत्रिमंडळाच्या बसकेत जाला. अर्थिकरित्या दुबळे आशिल्ल्या कर्मचाऱ्यांच्या भरतीची जापसालदारकी समाज कल्याण खात्या कडल्यान, कार्मिक खात्याकडेन दिवपाचो निर्णय बसकेत जाला. तशेंच जीएसटी कायदो दुरुस्ती विधेयकाक मंत्रिमंडळान मंजुरी दिल्या, अशी म्हायती मुखेलमंत्र्यांनी दिली.

Ganesh

गोंंय विधानसभेची वेंंचणूक फेब्रुवारी 2027 वर्सा जावप शक्य आसा. वेंचणुकेचे वेळापत्रक वेंंचणूक आयोग जाहीर करतलो, अशेंं मुखेलमंंत्री डॉ. प्रमोद सावंंत हांंणी सांंगलांं. मंंत्रालयात विधानसभा वेंचणुकेविशी उलयताना तांंणी ही म्हायती दिली. विधानसभेचो कार्यकाळ मार्च 2027 वर्सा सोपता. ताचे पयली विधानसभेची वेंचणूक जावप आवश्यक आसा.

DIP

कदंब येरादारी म्हामंडळान नव्यान खरेदी केल्ल्या 53 आसनांच्या बसींचे आज सकाळी 10.30 क पणजे कदंब बसस्थानकार आयोजीत केल्ले कार्यावळींत  लोकार्पण जातले. मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत, येरादारी मंत्री मॉविन गुदिन्हो आनी कदंब येरादारी म्हामंडळाचे अध्यक्ष आमदार उल्हास तुयेंकर बावटो दाखोवन बसींचे लोकार्पण करतले.

विभाजन यादस्तीक दीस Jan – 30

गोंयांतल्या सगळ्या शाळांनी आज १४ ऑगस्टाक 'विभाजन विभीषिका यादस्तीक दीस' पाळचो, अशें शिक्षण खात्यान मांगलां. देशाच्या फाळणीच्या इतिहासिक म्हत्वाविशीं आणी त्या वेळच्या घडणुकांची, विद्यार्थ्यांमदीं जागृताय निर्माण करपाच्या उद्देशान, गोंय सरकारान हो निर्णय घेतला.

DIP

पणजे पोरण्या सचिवालया मुखार जावपी राज्य पांवड्या वयल्या स्वातंत्र्य दीस सुवाळ्यात मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांच्या हस्तुकीं उत्कृश्ट सेवेखातीर पुलीस अधिकाऱ्यांक पदकां भेटयतले. हेडकॉन्स्टेबल (येरादारी विभाग)  झुबेर मोमिन हांका राष्ट्रपती पुलीस पदक, पुलीस उपअधिक्षक (येरादारी विभाग) सुदेश नार्वेकर, पुलीस अधिक्षक गुरूदास गावडे आनी गुरूदास कदम हांका पुलीस पदक प्रदान करतले.

DIP

पत्रादेवीच्या हुतात्मा स्मारका कडेन फाल्या 15 ऑगस्टाक सकाळीं 11.30 वरांचेर आयोजीत केल्ले स्वातंत्र्य दीस कार्यावळींत मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हुतात्मा स्मारकाचेर पुष्पचक्र ऑपतले आनी उपरांत राष्ट्रीय तिरंगो बावटो हुबयतले. हे कार्यावळींत बालभवनाचीं भुरगीं वंदे मातरम् गीत सादर करतलीं.

Weather

गोंयांत 14 ते 19 ऑगस्ट मेरेन मध्यम स्वरुपाच्या पावसाची शक्यताय हवामान खात्यान उक्तायल्या. 19 ऑगस्ट मेरेन गोंयांतलें चडांत चड तापमान 31 ते 32 अंश जाल्यार उण्यांत उणें तापमान 25 ते 26 अंश सेल्सियस मेरेन आसतलें, अशी शक्यताय हवामान खात्यान उक्तायल्या.

Sports

स्विमींग फॅडरेशन ऑफ इंडियाच्या मार्गदर्शना खाला ओडिशा राज्य स्विमींग असोसिएशना वतीन आयोजीत केल्ले 52वे ज्युनीयर राष्ट्रीय स्विमींग चॅम्पियनशीप

2026 सर्ती खातीर गोंयच्या स्विमींग पंगडाची घोशणा केली. सर्त 18 ते 23 ऑगस्ट मेरेन ओडिशाच्या भुवनेश्वर शारांत जातली.